# प्रादेशिक खबरो

०४०९२०२५ ७.20 pm

जीएसटी दराचे नवे स्लॅब व सुधारणा वेवसाय गिरायकां खातीरूच फायद्याचे ना जाल्यार ते समाजा खातीरूय फायद्याचे आसा अशी प्रतिकिया मानेस्तानी उक्ताय्ल्या

2027 विधानसभा वेंचणुक लढोवपाच्या फांटभुयेर का ॅग्रेस पक्ष सोडुन गोवा फोर्वड,आम आदमी पक्ष तशेंच समविचारी हेर पक्षाकडे उलोवप सुरू आसा अशी म्हायती का ॅग्रेस पक्षाचे फुडारी जुझे डीसौझा हांणी दील्या

बांबोळे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय आनी हा ॅस्पीटलाच्या वाठारात येवपी tertiary cancer center च्या तिसऱ्या स्लॅबाची कामाची पळोवणी भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी प्रत्यक्ष भेट दींवन केली

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी शिक्षक दिसानिमतान सगळें शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांक परबीं भेटयल्या.

<u>गणेश 110</u>

जीएसटी दराचे नवे स्लॅब व सुधारणा वेवसाय गिरायकां खातीरूच फायद्याचे ना जाल्यार ते समाजा खातीरूय फायद्याचे आसा अशें गोवा चेंबरची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हांणी म्हणला. विमा आनी भलायकी सेवांचेर जीएसटी परवडपी आशिल्ल्यान मागणेंत वाड जातली. जीएसटी सुधारणा अर्थीक वाडीक पुरो जातली. हाका लागून देशाची समाजीक आनी अर्थीक घडी घटमूट जावपाक मजत जातली, अशें गोवा चेंबरचे अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हांणी म्हणला.

दर कपातीक लागून जीडीपी वाडींत भर पडटली. हाका लागून राष्ट्रीय विकास दर ०.५ टक्के वाडपाची शक्यताय आसा. उणो केल्ल्या दराक लागून खर्च करपा योग्य उत्पन्न वाडटलें आनी ऑटोमोबायल्स, गिरायक उपेगी वस्तू, कपडे आनी हेर म्हत्वाच्या उत्पादनांची मागणी वाडटली. उणो अनुपालन खर्च आनी उण्या केल्ल्या कराचो लाव सुक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक जातलो, अशें गोवा चेंबरान म्हणला.

सुभाष 170

असोचेम गोंय फाटयांचे अध्यक्ष मांगिरिश पै रायकर हांणी जीएसटी उणें केल्यान समाधान उक्तायले .

रश्मी

हे विशी उलयताना all goa hotelier and restaurant Association चे अध्यक्ष गौरीश धोंड स्वागत केला. ह्या सुधारणेचो हॉटेल उद्देगाक चडान चड फायदो जावंक जाय अशी मागणी आपणे मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचेकडेन केल्या अशी म्हायती दीली.

गोंय हे आंतरराश्टीय पर्यटन थंळ आशील्ल्यान हांगा चड पर्यटक येतात.ताका लागुन गोयातली हाॅटेल आनी पर्यटन थंळ महत्वाचो थारता.हे सगळे लक्षात घेतल्या उपरांत हाॅटेल आनी रेस्टोरेंन्टकारांक सध्याच्या सुधारीत gst चेर flat 5% स्लॅब दीवचो,हाका लागून गिरायकांक ह्या मळार बरी सेवा दीवपाक परवडपी थारतली अशे गौरीश धोंड हांणी म्हणला.byte

महेश

GCCI चे महा संचालक संजय अमोणकर हानी सांगळे कि सामान्य जनतेक आणि शेतकि वेलो GST उणो करप ही सामकी बरी गजाल. हाका लागून पैशे घोळपाक लागतले आणि अर्थ वेवस्था वाडतली आणि शिक्षण आणि शेतकी मळार खूप प्रगती जातली अशे ताणी म्हणले.

महेश

GLF GOA LIVELIHOODS FORUM ची संस्थापक आशा वेर्णेकार हाणी GST त जाल्या बदलाक येवकार दिला आनी म्हळा की अमेरीकेन टेरीफ वाडील्यान आयिल्लो पेज ह्या बदलाक लागुन सामान्य मनशाक आनी उद्देगांक थाकाय दिवपी थारला

रश्मी130

2027 विधानसभा वेंचणुक लढोवपाच्या फांटभुयेर कॉंग्रेस पक्ष सोडुन गोवा फोर्वड,आम आदमी पक्ष तशेंच समविचारी हेर पक्षाकडे उलोवप सुरू आसा अशी म्हायती कॉंग्रेस पक्षाचे फुडारी जुझे डीसौझा हांणी दील्या.कॉंग्रेस पक्ष हो हेर पक्षांक योग्य व्सासपीठ दीना ,ताका लागुन राश्टवादी पक्ष कॉंग्रेसीकडे 2027 च्या विधानसभा वेचणुकेखातीर युती करचे ना अशे जुझेन म्हणला.पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार उलयताले.जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्या फांटभुयेर राश्टवादी पक्षावतीन ही वेंचणुक लढोंवक कोण उमेदवार पात्र आसात त्या उमेदवारांची नावा NCP पक्षाची राश्टीय कार्याध्यक्ष आनी खासदार सुप्रिया सुळे हांका धाडल्यात अशी म्हायती NCP पक्षाचे फुडारी जुझे डीसौझा हांणी सांगले.गोंयच्या लोकांचो रेल्वे दोट्टीकरणाक विरोध आसा,हाका लागुन कोळश्याची येरादारी वाडुन प्रदुशण जातले अशे जुझे डीसौझा हांणी म्हणला. जाल्यार सध्या रस्त्याची चाळण जाला,हे सगळे कमीशनाच्या नादान दील्ल्या कंत्राटाखातीर बाबत दर्जाचे रस्त्याचे काम जाला .हाका लागुन अपघाताचे प्रमाण वाडला,जाल्यार कांय जाणाचे जीव लेगीत गेल्या असो आरोप ह्यावेळार राश्टवादी पक्षाचे उपाध्यक्ष रवींद्र तळावलीकार हांणी म्हणला

रश्मी110

गोंयच्या वेगवेगळ्या पर्यटन थळांचेर प्रसाधनघरांची बरी सेवा हांगा येवप्यांक मेळची म्हण गोंय पर्यटन खात्यान नुतनीकरण केल्ले 20 toiletsचे हालीच लोकार्पण केला .स्वच्छ भारत वरवी ह्या toiltes चे गोंय पर्यटन खात्यान नुतनीकरण केला. ह्यानपयली अशा आनीक 21 toilets चे नुतनीकरण गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळान केंद्र सरकाराच्या स्वदेश दर्शन येवजणवरवी केल्ले. मांद्रे,मोरजी,आश्वे,हणजीण,कांदोळी,कळंगुट,बागा,पणजी,शीरदाव,मडगांव, कोल्वा, बाणावली, सेरनाभाटी,फातोंडा,कावालेसी,वार्का, मोबोर, आनी पाळोळे ह्या दर्यादेग पर्यटन थळांचो आसपाव आसा.2021 वर्सा ज्या कंत्राटदाराक प्रसाधनघरा चलोवपाचे कंत्राट दील्ले,तो बरी सुविधा दीवपाक अपयेसी थारील्ल्यान पर्यटन खात्यान संबंधीत कंत्राट जुन 2024 वर्सा रद्द केल्ले.ताच्या उपरांत sulabh international social service organisation हांच्या जोडपालवान नुतनीकरण केल्ले pay and use

तत्वार प्रसाधनघरांची सुविधा पर्यटकांक आनी हांगा येवपी हेर लोकांक उपलब्ध करून दील्यात अशी म्हायती गोंय पर्यटन खात्यान दील्या.

रश्मी80

बांबोळे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय आनी हाॅस्पीटलाच्या वाठारात येवपी tertiary cancer center च्या तिसऱ्या स्लॅबाची कामाची पळोवणी भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी प्रत्यक्ष भेट दींवन केली. tertiary cancer center वरवी दुयेतींकबरी उपचार सेवा दीवपाक कटीबद्ध आसा अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. दुयेंती खातीर ह्या सुविधेवरवी खाशेल्या सेवांचेर लक्ष केंद्रीत करतले.केन्सरासारख्या दुयेसाचेर उपचार परवडपी दरात करपा खातीर पी.पी.आय.एल.टी वांगडा कबलात करून दुयेतींक बरे करपाची सुविधा हाडपी मेगा वैजकी शिबिरां, आनी ए.आय यंत्रणेवरवीं चालना दिवपीा कॅन्सराची तपासणी ह्यो सुविधा सरकार उपलब्ध करून दीतले अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

गणेश 120

गोंयांतल्या शाळां, महाविद्यालयां आनी संस्थांनी शिकपी दिव्यांग विद्यार्थ्यांक विद्यावेतन आनी शिश्यवृत्ती दिवपा खातीर दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण संचालनालया वतीन कल्याणकारी येवजण सुरू केलया. पयली ते आठवी यत्तेच्या विद्यार्थांक म्हयन्याक २०० रूपया आनी यत्ता ९ वी ते १२ वी यत्तेच्या विद्यार्थांक म्हयन्याक ३००  रूपया हे प्रमाण ११ म्हयन्यां खातीर विद्यावेतन दितात. यत्ता  ९ वी ते १२ वी वा विद्यापीठ अभ्यासक्रमा प्रमाण तत्सम यत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्यार्थ्यांक

म्हयन्यांक ५०० रुपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक २०० रुपया हे प्रमाण ११ म्हयन्यां खातीर शिश्यवृत्ती आनी दृश्टीहिन विद्‍यार्थ्यांक म्हयन्याक ७५ रुपया हे प्रमाण ११ म्हयन्यां खातीर रिडर भत्तोदितात.बी. ए., बी.कॉम., बी. एससी., आदी यत्तेच्या डे-स्कॉलर विद्‍यार्थ्यांक म्हयन्याक ६५० रुपया, हॉस्टेलांत रावप्यांक म्हयन्याक २७० रुपया हे प्रमाण ११ म्हयन्यां खातीर शिश्यवृत्ती आनी अंध विद्‍यार्थ्यांक म्हयन्याक ११५ रुपया हे प्रमाण ११ म्हन्या खातीर भत्तो दितले.

सुभाष 70

कुडचडेंच्या चंद्रभागा तुकोबा नायक उच्च माध्यमिक शाळेन, रविंद्र भवन कुडचडे हांच्या सहकार्यान अखिल गोंय पातळेचेर आंतर उच्च माध्यमिक वादविवाद सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त १८ सप्टेंबर २०२५ दिसा सकाळीं ९ ते सकाळीं १ मेरेन रविंद्र भवन कुडचडे सभाघरात जातली. चंद्रभागा तुकोबा नायक उच्च माध्यमीक पालक शिक्षक संघटणेन सगल्या उच्च माध्यमीक शाळांक हे सर्तीत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां. हे सर्ती खातीर प्रवेश अर्ज ६ सप्टेंबर मेरेन धाडपाचें आवाहन सीटीएन उच्च माध्यमीक शाळेच्यो प्राचार्य सुगंधा भट हांणी केलां.

DIP160

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी शिक्षक दिसानिमतान आमच्या समाजाचो फुडार घडोवपाक आपली जीण समर्पित करपी सगळें शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांक परबीं भेटयल्या. म्हान तत्वज्ञानी आनी राजकारणी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन

हांची ह्या दिसा जयंती. शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान प्रामाणिक आनी गिन्यानी समाज निर्माण करपाचे तांचे व्हिजन खुब म्हत्वाचे आसा.

राज्यपाल म्हणटा, शिक्षक हे खरें राष्ट्रनिर्मातें आसात. ते न्हय फकत गिन्यान दितात, जाल्यार आपल्या विद्‌यार्थ्यांमदी मुल्यांची रूजवण करतात, जिज्ञासा वाडयतात आनी सभाव-गुणांक पोसवण दितात. प्रयोगशील जावपाक, नैतिक मुल्यां उखलून धरपाक आनी जबाबदार नागरिक जावपाक ते युवा मनांक मार्गदर्शन करतात, म्हूण आयच्या नेटान बदलपी संवसारात तांची भुमिका आनीक चड म्हत्वाची आसा. जे तरेन भारत "विकसीत भारत @2047" च्या उद्‌दीश्टा कडेन वाटचाल करता, तशें कुशळ, मायेस्त आनी फुडाराक तयार आशिल्ली पिळगी निर्माण करपात शिक्षकांचे योगदान म्हत्वाचे आसतले. विकसीत राष्ट्राची बुन्याद ताच्या शिक्षण पद्‌दतीची तांक आनी शिक्षकांच्या समर्पित सेवेचेर निंबून आसता.

कुशळटायेक पोसवण दिवपाक आनी युवा मनांची जडणघडण करपाक शिक्षकांकडल्यान जावपी अथक प्रयत्नांची तोखणाय करतना राज्यपाल म्हणटा, येणाऱ्या पिळग्यांक गिन्यानी आनी सशक्त करपाचो तुमचो वावर सतत चालू आसू. शिक्षक दिसाची उर्बेभरीत परबीं.

DIP 120

गोंयचे र□ज्यप□ल पुस□पती अशोक गजपती र□जू हं□णी गोंयच्य□समस्त लोकं□क आनी ख□स करून संवस□रभरं□तल्य□ केरळीयन सम□ज बं□धवं□क ओणम सण□ची उर्बेभरीत परबीं आनी शुभक□मन□भेटयल्य□

र□ज्यप□ल आपल्य□संदेश□त म्हणट□, ओणम सण समृध्दी, सलोखो आनी सं□स्कृतीक व□रसो आनी परंपरं□चो एक व्हड आनी खुब म्हत्व□चो उत्सव आस□ हो सण र□ज□महब□लीच्य□ र□जवटीच्य□उगड□स□क मनयत□त, जं□ची र□जवट सम□नत□य, न्य□य आनी भरभर□टीची म□नत□त. ओणम उत्सव◌□त एकजूट, मोग आनी अंतर्भ□व दिसून येत□, जो सद□क□ळ आनी विश्वव्य□पी आस□ पुक्कलम ते ओण□स□द्य□ परंपरं□चो आस्प□व आशिल्लो ओणम सण खुश□लक□य, एकजूट आनी कृतज्ञत□येचे प्रतिक ज□वन आस□ हो सण खरी खुश□लक□य सलोखो आनी समृध्दीची दिवप घेवप करप□च्य□भ□वनेत आस□, ह□चोय उगड□स करून दित□ ह्य□ओणम सण□च्य□प्रसंग□र ही मुल्यं□सं□ब□ळून दवरप□क आनी भ□वपण□चे बंधन

